# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक चवथीची परबीं

ता. 9 सप्टेंबर 2021

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक चवथीची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "गणेश चतुर्थीच्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी मनाकाळजासावन परबीं आनी शुभकामना दिता.

देवदेवतांमदी श्रीगणेशाक खास स्थान आसा. देवदेवतांमदी श्रीगणेशाक पयलो मान फावता. ते खातीर खंयचोय शुभ विधी वा पुजेची सुरूवात श्रीगणेश पुजेन करतात. श्रीगणेशाक विघ्नेश्वरय म्हणटात, जो सगळ्यों अडीअडचणीं पयस करता. श्रीगणेशाक यशाची देवता मानतात. ते खातीर श्रीगणेश सगळ्यांत लोकप्रिय, प्रेमळ आनी प्रत्येकाकडल्यान समान भावनेन आनी उमेदीन पुजपात येवपी देवता आसा. ह्याच कारणाखातीर लोकमान्य टिळकान, जांणी 1920 पयली स्वातंत्र्य चळवळ प्रभावीत केली, तांणी देशाच्या सगळ्यां लोकांक एकटाय हांडपाच्या उद्देशान गणेश चतुर्थी उत्सव राष्ट्रीय उत्सव म्हुण लोकप्रिय करपाचो निर्णय घेतलो. तांणी समाज उत्सव म्हुण सार्वजनीक गणेश उत्सवाक सुरूवात केली.

गणेश चतुर्थी हो इश्टागत, समाजीक सलोखो आनी एकामेकांमदी समजीकाय वाडोवपी खास आनी लोकप्रिय उत्सव आसा. हो उत्सव विविधतायेत एकता ह्या तत्वाविशींचो आमचो भावार्थ मजबूत करता. गोंयांत सगळो समाज गणेश चतुर्थी उत्सव व्हडा भक्तिभावान आनी उत्साहान मनयता आनी गोंयच्या समाजात एकजूट आनी धार्मिक सलोखो वाडयता.

ह्या वर्सा कोवीड म्हामारीक लागून लोकांनी योग्य काळजी घेवन उत्सव मनोवचो. भलायकीच्या शिश्टाचाराक कडक पाळो दिवन सुरक्षीत आनी निरोगी रावचें, अशें हांव सगळ्यां गोंयच्या लोकांकडेन मागता.

ह्या शुभ प्रसंगार प्रत्येक कुटुंबाचेर श्रीगणेशाची कृपा आसू आनी प्रत्येकाक बुद्धी, यश, आनंद आनी भरभराटीचो आशिर्वाद मेळो, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/763

-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji